# <u>क्षमता वाड प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण</u>

ता. 19 फेब्रूवारी 2018
30 माघ 1939

राष्ट्रीय वाचनालय चळवळ आनी केंद्रीय सांस्कृतीक मंत्रालयान राजा राम मोहन रॉय ग्रंथालय फाऊंडेशनाखाला भौशिक वाचनालय अधिका-यांखातीर आयोजित पाच दिसाच्या 'क्षमता वाड प्रशिक्षण' कार्यक्रमाचे आयज पाटो हांगाच्या संस्कृती भवनात उक्तावण केले. वाचपघर सेवांनी सुदारणा करपाच्या उद्देशान ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

कला, आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. गुरूदास पिळर्णकर, राज्य मध्यवर्ती वाचनालयाचे क्युरेटर कार्लोस फर्नांडिस, 'इग्नू' च्या ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्र विभागाचे प्रमुख प्रो. उमा कांजीलाल, कार्यक्रम समन्वयक श्री. ए. बिस्वास, वरिश्ठ ग्रंथपाल श्रीमती सुलभा एस. कोळमुळे ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

श्री. बिस्वास हांणी प्रशिक्षण कार्यशाळेचो उद्देश सांगलो. प्रो. कांजीलाल हांणी राष्ट्रीय वाचनालय चळवळीची म्हायती दितना वाचनालय चळवळ मजबूत करपाची आनी लोकांमदी वाचनाची सवय वाडोवपाची गरज उक्तायली.

श्री. गुरूदास पिर्ळणकर हांणी ज्ञान हे आपल्या पुरते मर्यादीत न दवरता ते एकामेकामदी वाटपाची गरज उक्तायली.

सुरवेक डॉ. कार्लोस फर्नांडिस हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. श्रीमती सिध्दी उपाध्याय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्र संचालन केले आनी निमणे श्रीमती सुलक्षा कोळमूळे हांणी उपकार मानले.